# पिकी पिकी काजुले

कोंकणी विभाग
पार्वतीबाई चौगुले महाविद्यालय
मडगांव गोंय

Parvatibai Chowgule College of Arts and Science 1962-2012

वर्स 16 अंक 03

सप्टेंबर 2022


उमेदींत लिकलिकत, आयले चोंब्यानी काजुले
आंगानआंग पर्जळ्ळे कोंकणी साहीत्याचे मळे.

## चलो स्कूल मेगा ड्रायव्ह वतीन सरकारी प्राथमीक शाळा - मोतीदोंगरार मनयलो आंतरराष्ट्रीय साक्षरता दीस




चलो स्कूल मेगा ड्रायव्ह अभियानाच्या वतीन 08 सप्टेंबर 2022 बिरेस्तारा दिसा सरकारी प्राथमीक शाळा मोतीदोंगरार आंतरराष्ट्रीय साक्षरता दीस मनयलो. आंतरराष्ट्रीय साक्षरता दीस मनोवपाचो मुखेल हेत म्हणल्यार लोकांक साक्षरताये विशीं जागृत करप, जाका लागून दरेकल्याक आपल्या वयक्तीक आनी समाजीक हक्कां विशीं खबर मेळटली. आंतरराष्ट्रीय साक्षरता दीस 1966 वर्सा 'द युनायटेड नेशन्स एज्युकेशनल, सायन्टिफिक अँड कल्चरल ऑर्गनायझेशन' वा युनेस्को हे संस्थेन घोशणा करून "साक्षरतायेचें म्हत्व मानून आनी मनीस हक्कांची म्हायती लोकांक याद करून दिवपाखातीर" मनोवपाक सुरवात केलो.

ह्या कार्यावळीच्या सुरवातेक शाळेची मुख्याध्यापक संगम कोमरपंत हांणी प्रास्तावीक उलोवप केलें आनी मुखेल सोयऱ्यांची वळख केली. उपरांत मुखेल सोयरे चलो स्कूल मेगा ड्रायव्ह अभियानाचे मुखेल संयोजक डॉ. गुणाजी सदानंद देसायान आमच्या थळाव्या समुदायां भितर तशेंच संवसारीक पांवड्यार अस्तित्वांत आशिल्ल्या साक्षरतायेच्या समस्यां विशीं जागृताय आनी चिंतन मंथन करपा खातीर आंतरराष्ट्रीय साक्षरता दीस दर वर्सा 8 सप्टेंबराक मनयतात म्हण सांगलें. तेच तरेन दरेक विद्यार्थी जर आपल्या कुटुंबांतल्या वांगड्यांच्या साक्षरतायेविशीं जागृत रावलो जाल्यार दरेक कुटुंब साक्षर जातलें अशेंय सांगलें. शाळेंतल्या चौथेच्या विद्यार्थ्यांनी शिक्षक दिसा निमतान वर्गांत वेगवेगळे विशयाचे शिक्षक म्हणून वावर केल्ले खातीर विद्यार्थ्यांची तोखणाय केली तशेंच शाळेच्या शिक्षकांनी विद्यार्थ्यांक संधी दिल्लेपासत तांकांय मुखेल सोयऱ्यांनी शाबासकी दिली.

### भितरल्या पानार -


शिक्षकांचें म्हत्व 02
शिक्षक आमकां जाय 03
साक्षरता दीस 04
एकचाराची कुरू 05



### संपादक मंडळ:

संपादक- ग्लिनीस डायस
उपसंपादक - शिवानी श्रीहरी वेरेंकार
मार्गदर्शक – डॉ. गुणाजी सदानंद देसाय




# शिक्षकांचे म्हत्व



अवीला मास्कारेन्हस



लि-सान्या इस्तिबेरो

बरो शिक्षक बरे नागरीक तयार करता. शिक्षक हे भुरग्यांचे दुसरे आवय-बापूय अशें मानतात. आवय-बापूय भुरग्यांची शारीरीक वाड जावूंक आधार दितात. जाल्यार शिक्षक बऱ्या तत्वां आनी मुल्यां वरवीं जिवीताचे पाठ दिवन गिन्यानान भरता. बरो शिक्षक आपल्या कार्यांतल्यान बरो नागरीक घडयता म्हणूनच आवय-बापाय इतलेच भुरग्यांच्या जिवीतांत शिक्षकांक महत्व आसा.

वर्सभर शिक्षक आमकां शिकयतात, आनी वर्साक एकूच दीस आमकां आमच्या शिक्षकांचो उपकार मानूंक मेळटा. आमच्या शिक्षकां खातीर आनंदाचो आनी तांच्या यादींत सदांकाळ उरूं सारको शिक्षकांचो दीस करूंक अत्यंत गरजेचें.

## शिक्षक दिसाचीं परबीं

इश्टा भशेन तुमी
जेन्ना खंय वचपाचे नासता
तेन्ना तुमचे लागीं येवपाक खबर आसता

पालका भाशेन तुमी
सारकें आनी चुकी,
वायट आनी बरें
हांचे मदी फरक आमकां सांगपी
सदांच बरी ती वाट आमकां दाखोवपी
आमचो फुडार सजोवपी

मार्गदर्शका भाशेन तुमी
बुध्दीचें गिन्यान आमचेर ओतोवपी
सुचोवण्यो आनी प्रोत्साहन दिवपी
धीर दिवपी आनी बरे पद्दतीन शिकोवपी

आरे शिक्षक रे ते आमचे
शिक्षक रे ते आमचे
तांकां देव बरें करूं म्हणूंया
तांचो मोग आमी करूंया
तांकां मान दिवंया
तांकां ताळयो मारूंया
शिक्षक दिसाचीं परबीं दिवंया

## शिक्षक दीस

सेतेंब्राचे 5 तारखेर दर वर्सा भारतांत आमी शिक्षक दीस मनयतात. ह्या दिसाक भारताचो आदलो राष्ट्रपती डॉ. एस राधाकृष्णन हांचो जल्म दीस. तो आमच्या देशाचो राष्ट्रपतीच नासलो पूण एक व्हड शिक्षक, बुदवंत आनी तत्वगिन्यानी आसलो.

विद्यार्थी आसतात तेन्ना आमच्या जिवीतांत अनेक शिक्षक आमच्या संपर्कांत येतात पूण ते सगळेच 'आयडियल' शिक्षक जायनात कारण जे गूण तांच्यांत आसूंक जाय ते आमकां जायते फावटी दिसनात. बऱ्या शिक्षकाक दुसऱ्यांक प्रभावीत करता तसले व्यक्तीमत्व आसूंक जाय. ताची शिकोवपाची पद्दत विद्यार्थ्यांचें लक्ष आकर्शीत करता तसली आसप गरजेची. बरो शिकोवपी आदीं आपले शिकोवपाचे पाठ बरे करून तयार करता तशेंच पूर्ण अभ्यासक्रमाची ताका जाणविकाय आसता. विद्यार्थ्यांकडेन बरो संबंध दवरप आनी बरी शिस्त सांबाळप हें शिक्षकाचें कर्तव्य हें ताका समजता. बरो आनी खरो शिक्षक विधार्थ्यांच्या काळजांत जायतीं तत्वां आनी मुल्यां वोंपता, जशें वेळाचें महत्व, नितळसाण, सेवा, शिस्त आदी. एक आदर्श शिक्षक विद्यार्थ्यांच्या काळजांत रिगून उरता आनी एक म्हान शिक्षक म्हूण विद्यार्थी तांकां स्विकारता.



स्मृती पै आंगले

शिक्षणां सावन तें उच्च शिक्षणा मेरेन आमकां कितलेशेच शिक्षक मेळटात. थोडे शिक्षक आमकां एका विशयाचो मोग लायतात वा दुसरे आमकां जिवन जगपाक शिकयतात. देखून तांकां मान दिवप खूब गरजेचो.

धावेच्या वर्गांत आसतना आमी शिक्षक दिसाखातीर व्हड कार्यक्रम करतालीं, पांचवी ते धावी वर्गा मेरेनचीं भुरगीं एकठांय येवन नाच, पदां, खेळ, नाटक हांची वेवस्था करतालीं वा तातूंत भाग घेवन शिक्षकां मुखार कार्यक्रम सादर करतालीं. आमी ह्या वर्साक शिक्षकां मुखार नाटक सादर केलें आनी ताणी आमकां भेट म्हणून चॉकलेटी दिल्यो.

## म्हजो शिक्षक दिसाचो अणभव

दर वर्सा सप्टेंबराचे पांच तारखेर आमी शिक्षक दीस मनयतात. ह्या वर्साक लेगीत आमी आमच्या विभागांत हो दीस मनयलो. पूण ह्या वर्साक चवथीची सुटी आशिल्ल्यान आमकां तो पांच तारखेर मनोवपाक मेळ्ळो ना. देखून आमी सप्टेंबराचे धा तारखेर शिक्षकां खातीर उमेदीन एक पद म्हणून आनी तांकां एक भेटकार्ड दिवन हो दीस मनयलो. हांव शाळेंत आसतना आमी शिक्षक दिसा खातीर खूब तरेचे कार्यक्रम करतालीं. नाच आनी गायन करून आमी सगळ्या शिक्षकांक नमस्कार करतालीं. पूण हो दीस आमी दर वर्सा कित्याक मनयतात?

कारण शिक्षक आमच्या आयुश्यांत खूब म्हत्वाचो आनी गरजेचो. आमच्या फुडाराक आकार दिवपी आमचे शिक्षक आसात. आमच्या आवय-बापाय फाटल्यान आमच्या फुडाराची काळजी करपी लेगीत शिक्षक आसात. मुळाव्या

# शिक्षक आमकां जाय



ग्रेना फॅर्नांडीस



ट्रेसी कुतीन्हो

## शिक्षक

शिक्षक समर्पीत आसात,
आमच्या शिक्षणाक
ही तांची आवड,
आनी आमची मुक्ती.

तांचें प्रामाणीक दयाळपण,
ते आमकां मार्गदर्शन करतात
आनी राखण करतात,
तांच्या पाखां खाला.

ते आमकां धीर दितात,
आनी सहजपणन पातळायतात
तांचो उपकाराक पडपी सल्ले,
आमकां भाकरे भशेन दिसतात.

ते फकत सुचोवण्यो दिनात,
पूण प्रोत्साहन दिवचो आनी विस्वास दवरचो,
ते भायर कांयच ना अशें,
आमी साध्य करूंक शकनात.

विद्यार्थ्यांच्या एका वर्गांत वेगवेगळे,
इतल्यो कागाळी, तो राखता
वर्गाचेर नियंत्रण दवरपी व्हड शिक्षक,
कसलोच मोर्चा करिनासतना !

शिक्षकाचे वेवसाय इतले उदात्त,
ते सगळ्यांत बरे मार्गदर्शक
आमकां कसलेंच कर्तूब करपाचो सल्लो दिना,
जें आमकां अभिमान हाडचें ना.

शिक्षक म्हणल्यार एका राष्ट्राचे बांदकाम करपी,
तांचे मदल्यान सगळेच वतात
तो एक नर्तक, गणितज्ञ,
एक गायक आनी एक मंत्री.

## शिक्षक दिसाचे अणभव, महत्व, विचार, आनी गरज

शिक्षक आपल्या विद्यार्थ्यांक समजून घेवपाक आनी तांकां पुराय मनान पुरवण करपाक व्हड यत्न करतात. डॉ. राधाकृष्णन हांच्या मतान "शिक्षकांक देशांत सगळ्यांत बरो मान आसूंक जाय". ताच्या सन्मानान मनयतात तो शिक्षक दीस आमकां बौध्दिक आनी नैतीक मार्गदर्शन आनी आदार दिल्ल्या आमच्या शिक्षकांचो उगडास करपाचो, कदर करपाचो, ताळयो मारपाचो आनी उपकार मानपाचो दीस थारता. शिक्षक, मार्गदर्शक म्हणून, विद्यार्थ्यांक फुडाराचे फुडारी म्हूण घडोवंक शकतात.

शिक्षकांच्या दिसा विद्यार्थी सांस्कृतीक सादरीकरणां करतात आनी शिक्षकां खातीर खेळ घडोवन हाडटात. शिक्षक दिसा शिक्षकांचें मनरिजवण करपा खातीर शाळा-महाविद्यालयांतले विद्यार्थी वेगवेगळे उपक्रम घडोवन हाडटात. हया उपक्रमांत नाच सर्ती, गायन सर्त, शिक्षकांची नक्कल, खेळ आनी कविता वाचप हांचो आस्पाव जाता. कांय विद्यार्थी पिकनीक, भेटवस्तू, फुलां आनी हातान तयार केल्लीं कार्डां दिवन शिक्षकांक परबीं भेटयतात. हें सगळें विद्यार्थ्यांनी आपल्या शिक्षकां कडेन आपलो मोग आनी आदर उक्तावपाचो एक मार्ग. दुसरे वटेन संस्था तांणी दिवपी अमूल्य सेवेची तांची कदर करपी एक खाशेलें जेवण वा यादस्तीक तांकां दितात. कांय आदले विद्यार्थी जे आपल्या जिवितांत अद्भूत कामां करपाक व्हड जाल्यात, तांकां 5 सप्टेंबराक आपल्या शाळांनी आनी म्हाविद्यालयांनी वचून आपल्या शिक्षकांक परबीं दिवपाक आवडटात आनी हो दीस याद उरपी करपाक तांचे वांगडा थोडो मोलाचो वेळ घालपाक आवडटा. कितेंय आसूं, दरेका शिक्षकाक मान्यताय मेळपाक फावो, आनी शिक्षकांच्या दिसा सारको दीस तशें करपाक एकदम योग्य प्रसंग आसता.

शिक्षकांचें महत्व आमच्या जिणेंत खेरीत तरेचें आसता इतलें मात सामकें खरें.

# एकचाराची कुरू

एकचाराची कुरू











नवरात्रां हो उत्सव म्हणल्यार दुर्गादेवीची पूजा करपाची आनंदाची परब. देशभर हो उत्सव खोशयेन आनी उमेदीन मनयतात. ‘नव’ म्हणल्यार णव आनी ‘रात्र’ म्हणल्यार रात. णव रातीं आनी धा दिसांच्या काळांत ऑक्टोबर / नोव्हेंबर म्हयन्यांत हो उत्सव मनयतात. नवरात्रांचे णव दीस दुर्गा देवीच्या णव अवतारांक ओंपतात. लोक देवीच्या ह्या सगळ्या रुपांची पूजा करतात. भारतांतल्या जायत्या वाठारांनी लोक णव दीस उपास करतात. गोंयांत देवळांनी मखरां जातात. हालींच्या तेपार नवरात्रांच्या निमतान लोकांमदीं एकचाराची भावना निर्माण जाल्ली पळोवपाक मेळटा. गोंयात कार्यालयांनी, महाविद्यालयांनी तशेंच खूबश्या सुवातांनी नवरात्रांच्या दिसांनी दर दिसा प्रमाणें वेगवेगळे कपडे घालून सगळया धर्माचे लोक एकचाराची कुरू दाखयतना दिसतात.